**बासमती तांदूळ वापराविशीं अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाचो लोकांक सल्लो**

ता. 06 जानेवारी 2022

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान सर्व सामान्य लोक, गिरायकां आनी अन्न वेवसायिकांक कळीत केला की संचालनालयान बॅच क्रमांक (A1) 60018038 चो दावत पुलाव बासमती तांदूळ, बॅच क्रमांक (A1) 60017014 चो दावत परंपरीक बासमती तांदूळ, बॅच क्रमांक (A1) 60016202 चो दावत पुलाव बासमती तांदूळ आनी बॅच क्रमांक (A1) 60016857 चो हेरिटेज बासमती तांदळाचे उकत्या बाजारातल्यान नमुने घेतले आनी अन्न सुरक्षा आनी मानक कायदो 2006 खालच्या प्रक्रियेप्रमाण अधिसूचित प्रयोगशाळांनी नमुन्यांची तपासणी/ विश्लेशण केले.

ह्या नमुन्यांचो अंतिम तपासणी/विश्लेशण अहवाल संचालनालयाक मेळिल्लो आसून ह्या नमुन्यांनी कीटकनाशकांचो अवशेश सापडला आनी हे नमुने “ **नेमांचे पालन करीना**” अशें अहवालांत म्हणला.

त्या खातीर सगळयां लोकांक आनी अन्न वेवसायिकांक वयर सूचीत केल्ल्या बॅच क्रमांकांच्या उत्पादनांचो वापर वा विक्री न करपाचो सल्लो दिला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/23

-
-
-
-
-
-
-

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji